## अनैतिक वेव्हार प्रतिबंद कायदो अंमलबजावणी सल्लागार मंडळाच्या स्थापणूके खातीर अर्ज

पणजीः ता. ३० ऑक्टोबर २०१८

कार्तिक ८, १९४०

गोंयांत अनैतिक वेव्हार प्रतिबंद कायदो, १९५६ च्या कलम १३(३)(ब) च्या अंमलबजावणे खातीर विशेश पुलीस अधिकाऱ्यांक मदत करपा खातीर बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्या वतीन उत्तर आनी दक्षिण गोंयांत अनधिकृत सल्लागार मंडळाची स्थापना करपाची आसा.

अनधिकृत सल्लागार मंडळाचो वांगडी जावपा खातीर भुरगीं आनी बायलांचे शिक्षण, भलायकी वा हेर कल्याणकारी कार्य वा भुरगीं मानसशास्त्र वा मनोरोगविज्ञान वा समाज कार्य व समाज विज्ञान वा मनीस उदरगत वा कायदो क्षेत्रांतलो वेवसायिक वा न्यायिक अधिकारी म्हूण अणभव आशिल्ले निवृत्त सरकारी अधिकारी पात्र आसा.

अनैतिक वेव्हार प्रतिबंद कायद्याच्या अंमलबजावणी खातीर जेन्ना विशेश पुलीस अधिकाऱ्यांक मंडळाच्या वांगड्याची सेवा जाय आसता तेन्ना ताका हजर रावपाक सांगतले. वांगड्याची सेवा आपवावूरपी तत्वांचेर आसतली आनी ताका कसलोच भत्तो वा मानधन मेळचेंना. संबंदीत जिल्ल्यांतल्या अर्जदारांक प्राधान्य दितले आनी कोंकणी, मराठी आनी हिंदी आनी इंग्लिश भाशा उलोवपाचे ज्ञान आसपाक जाय.

बिगर सरकारी संस्थांची खंयचीय व्यक्ती वयल्या सल्लागार मंडळाची वांगडी जावपाक इत्सूक आसा जाल्यार तांणी बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयाच्या कार्यालयांत वा www.dwcd.goa.gov.in ह्या संकेत थळार उपलब्ध आशिल्ले विहित नमुन्यातले अर्ज भरून आपले दोन रंगीत फोटो, सगल्या पात्रताय दाखल्यांच्यो स्वःता प्रमाणित केल्ल्यो प्रती, जल्म दाखलो आनी हेर दाखल्या सयत राज्यांतल्या दोन नामांकीत व्यक्तिच्या संदर्भा सयत ता. २१ नोव्हेंबर २०१८ मेरेन संचालक, बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालय, दुसरो माळो, पोरणीं शिक्षण खात्याची इमारत, १८ जून मार्ग, पणजी ४०३००१ हांगा सूपूर्द करचे.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/माधा/बिंभ/**२०१८/१७२०